*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**कुडचडेच्या रविंद्र भवनावतीन बायलांखातीर हस्तकला कार्यशाळांचे आयोजन**

ता. 15 जानेवारी 2020

कुडचडेच्या रविंद्र भवनावतीन ता. 27 जानेवारी ते 1 फेब्रुवारी 2020 मजगती सांगे आनी केपे म्हालातल्या बायलांखातीर वेगवेगळ्या प्रकारच्या हस्तकला कार्यशाळांचे आयोजन केला. कार्यशाळां दनपारां 2.30 ते सांजवेळा 5.30 मजगती सकयल्या प्रमाण वेगवेगळ्या केंद्रांचेर जातल्यो.

रेशीम घाग्यापासून दागीने आनी अलंकार तयार करपाची कार्यशाळा, वीज खात्याचे सभाघर, पंटेमळ, डेकॉपॉज, डॉट पेंटिंग, वारली पेंटिंग आनी मंडला आर्ट कार्यशाळा, सरकारी मुळावी शाळा, बागवाडो शिरफोड, फुला तयार करपाची कार्यशाळा, सरकारी मुळावी शाळा, काकोडा, रेवे पासून चित्रां तयार करप आनी डोर मॅट तयार करपाची कार्यशाळा, शेल्डे पंचायत सभाघर आनी थ्री-डी वॉल फ्रेम तयार करपाची कार्यशाळा, असोल्डे पंचायत सभाघर.

ह्या कार्यशाळांक पयली येवप्यांक पयली हे प्रमाण फकत 50 बायलांक प्रवेश दितले. कार्यशाळा केपे आनी सांगे म्हालातल्या बायलांखातीर फुकट आसून कार्यशाळेक लागपी साहित्य रविंद्र भवना वतीन दितले.

कार्यशाळेखातीर प्रवेश अर्ज कुडचडेच्या रविंद्र भवनात उपलब्ध आसून पुराय भरिल्ले प्रवेश अर्ज दोन पासपोर्ट आकाराचे फोटो, आधार कार्ड आनी जल्म दाखल्याच्या प्रती सयत ता. 20 जानेवारी 2020 मेरेन स्विकारतले. चड म्हायती खातीर सर्वदा सावंत (फोन न. 0832-2653083) हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/46

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA